Time : 1½ Hours **SECOND TERM** KONKANI LANG. II

Subject Code

| H | 4 | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|---|

Total No. of Questions : 6 (Printed Pages : 4) Maximum Marks : 40

---

**सुचोवण्यो** : (*i*) दरेकी प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** विधानाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : 5

(अ) ''नाका रें सायबा, म्हाका तुजे हुमले खायत.''

(आ) आमच्या भुरगेपणांत हीं वखदां नाशिल्ली. तांची गरज लेगीत नाशिल्लीं.

2. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप सुमार **आठ** ते **धा** उतरांनी बरयात : 1

(अ) कोर्णे बावट्या कट्ट्यार विंगड-विंगड रंगाचे बावटे कित्याक लायतात ?

(आ) मनशान सदांच आशावादी कित्याक आसचें ?

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप सुमार **चाळीस** ते **पंचेचाळीस** उतरांनी बरयात : 3

(अ) आयज शालेय अभ्यासक्रमांत वेवसायीक विशयांचो आस्पाव कित्याक केला ?

(आ) श्री कृष्णाची शिश्टाय सफळ कित्याक जायना ?

3. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** पद्यांशाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : 4

(अ) आतां फ्लॅटांनी सजल्यां शारां

शेजरा शेजराचीं बंद दारां

(आ) मातये वास हुंगतलों

मनीस मनीस सोदतलों

(ख) सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंसांत दिल्लें फावो तें उतर वेंचून कवितेच्यो वळी पुराय करात : 3

(1) आंकुरवंती उफाड धरती

म्हंवरें साळीक आतुर ..........

(चिवरां, भंवरा, किमसां)

(2) पोर्सां मळे कसयतलों

सड्यार फुलां ..........

(बावयतलों, फुलयतलों, पालयतलों)

(3) म्हज्या कुंड्यांनी

हांवें थोडीं झाडां ..........

(पुरलीं, रोयलीं, तोडलीं)

4. (क) सकयल दिल्लीं खंयचींय **तीन** वाक्यां कंसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात : 3

(अ) बैतखोल कारवार (शार) बोटी धक्को.

(कंसांतल्या उतराक फावो तें विभक्ती प्रत्यय लायात)

(आ) तूं कुळागरांत पाट लावशी ?

(आज्ञार्थी करात)

(इ) कोण दुबळो म्हणत तूका ?

(विधानार्थी करात)

(ई) तो ताका शाणेपणाच्यो खुबश्यो गजाली शिकयता.

(भविश्यकाळांत बरयात)

(ख) सकयल कंसांत दिल्ल्या क्रियापदाचें फावो तें रूप रित्या सुवातिनी घालून उतारो पुराय करात : 2

(येवप, घडोवप, वापरप, जावप)

मूर्तीकार मूर्त ………… . ती सोबीत दिसची म्हूण तो आपली कुशलताय ………… .

(ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** उतरांची उरफाट्या अर्थाची उतरां बरयात : 2

(अ) नैतीक

(आ) प्रतिकूल

(इ) यश

(घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** ओपारींचो अर्थ बरयात : 3

(1) मोडक्या खुरसाक कोण पांयां पडटा ?

(2) खोरजता एकेकडेन, खरपिता दुसरेकडेन.

(3) दर्यांत आसा मासो, मोल करता पिसो.

(4) दिसता तशें नासता म्हणून जग फसता.

5. (क) विनोबा भावे उच्च माध्यमिक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या "गीत गायन सर्त" कार्यावळिची आमंत्रण पत्रिका/आपोवणें तयार करात. 5

(ख) सकयल दिल्ली जायरात वाचून अंबिका/अंबर राजकर, घर क्र. 83, चंद्रवाडा फातोर्डा मडगांव सावन अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात. 5

<u>गरज आसा</u>

हिशोबनीस (Accountant)

| | | |
|---|---|---|
| शिक्षणीक पात्रताय | : | वाणिज्य शाखेची पदवी |
| | : | संगणकाचें गिन्यान |
| | : | कोंकणी भाशेचें गिन्यान |
| अणभव | : | एक वर्स |

पुराय माहितीसयत अर्ज करात

| | | |
|---|---|---|
| संपर्क | : | वेवस्थापक |
| | | लोकमान्य टिळक महाविद्यालय |
| | | पणजी-गोंय. |

6. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** विशयाचेर सुमार 150 उतरांनी बरयात : 4

(अ) जीव साबाळांत अपघात टाळांत

(आ) म्हजें भुरगेपण परत मेळ्ळे जाल्यार.............

(इ) हांवे केल्ली दोंगर भोंवडी.